# गोंय राज्य जैवविविधताय संवर्धन पुरस्कार 2024 जाहिर

ता. 21 एप्रिल 2025

गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळान जैवविविधताय, पर्यावरण आनी पर्यावरण संवर्धन मळावयल्या तोखणायेच्या वावरा खातीर 2024 वर्सा खातीर गोंय राज्य जैवविविधताय संवर्धन पुरस्कारांची घोशणा केली.

ह्या वर्सा हे पुरस्कार पाच श्रेणींत भेटयतले. सर्वोत्तम जैवविविधताय वेवस्थापन समिती (उत्तर आनी दक्षीण गोंय) प्रत्येकी 50,000/- रुपया, वैयक्तिक श्रेणींत उत्तर आनी दक्षीण गोंयांतल्यान प्रत्येकी एका व्यक्ती खातीर 25,000/- रूपया, जैवविविधताय उत्साही श्रेणींत उत्तर आनी दक्षीण गोंयांतल्यान प्रत्येकी एका व्यक्ती खातीर 15,000/- रूपया, वेव्हारीक जैवविविधताय संशोधक श्रेणींत 25,000/- रूपया, हरित पत्रकारिता श्रेणींत 25,000/- तशेंच विशेश प्रशंसा पुरस्कार श्रेणींत प्रत्येकी 10,000/- रुपया रक्कमेचे पुरस्कार भेटोवपात येतले.

सर्वोत्तम जैवविविधताय वेवस्थापन समिती श्रेणींत पिळगांव जैवविविधताय वेवस्थापन समिती आनी बांदोडा जैवविविधताय वेवस्थापन समितीक जाल्यार विशेश श्रेणींत चांदर, केळशी आनी वेर्णा बीएमसी हांका पुरस्कार जाहिर जाला.

वैयक्तिक श्रेणींत निवृत्त कृशी उपसंचालक श्री. विठ्ठल अनंत जोशी (उत्तर गोंय) आनी निवृत्त सरकारी कर्मचारी आनी उत्साही फळ उत्पादक श्री. दत्ताराम गोपाळ सरदेसाय (दक्षीण गोंय) हांका पुरस्कार जाहिर जाला.

तोखणाय श्रेणींत (वैयक्तिक) श्री. आनंद मेळेकर (उत्तर गोंय), श्रीमती लीलावती उसगांवकर, श्री. नावो पावणो आनी फा. सिरियाक जेम्स (दक्षीण गोंय) हांका पुरस्कार जाहिर जाला.

जैवविविधताय उत्साही श्रेणींत गोमंतक गौसेवक महासंघाचे अध्यक्ष श्री. कमलाकांत सावळो तारी आनी गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांत सध्या कार्यरत आशिल्लें श्री. देवेश नाईक हांका पुरस्कार जाहिर जाला.

उत्साही श्रेणींत तोखणाय पुरस्कार श्री. जहीर करमली आनी श्री. दुमिंग आर्केडिओ फर्नांडिस (उत्तर गोंय) आनी श्री. राजेंद्र वेळीप, श्री. रॉय बार्रेटो, श्री. नेस्टर फर्नांडिस आनी श्री. पियो प्रॅक्सेडीस ज्युलिओ काद्रोस (दक्षीण गोंय) हांका जाहिर जाला.

तोखणाय जैवविविधताय संशोधक श्रेणींत श्री. गोपीनाथ विष्णू गावस, श्री. मांगिरिश धारवाडकर आनी श्री. राहुल कुलकर्णी हांका पुरस्कार जाहिर जाला.

हरित पत्रकारिता श्रेणींत फोटो जर्नलिस्ट श्री. गणेश शंकर शेटकर हांका आनी तोखणाय श्रेणींत श्री. वहाब खान, श्रीमती आरती दास आनी श्री. सुभाष महाले हांका पुरस्कार जाहिर जाला.

बीएमसीचे कार्य सुलभ करपा खातीर तोखणायेचो वावर करपी सचीव वा अध्यक्ष वा सक्रिय वांगडी म्हूण प्रमाणपत्र, स्मृतिचिन्ह आनी रोख 5,000/- रूपयांचो पुरस्कार श्री. नितीन सावंत (सचीव, नेवरा बीएमसी), श्रीमती अंकिता देसाय (सचीव, कुडतरी बीएमसी), श्रीमती प्रिया आल्मेदा (अध्यक्ष, नावेली बीएमसी), श्री. विनय तुबकी (अध्यक्ष, श्रीस्थळ बीएमसी), श्री. नंदा माजिक (अध्यक्ष, केरी सत्तरी बीएमसी), श्री. युसेबियो ब्रागांझा (सचीव, राय बीएमसी), श्री. महेश वायंगणकर (अध्यक्ष, हरमल बीएमसी), श्री. अल्विटो डिसिल्वा (अध्यक्ष, पोम्बुर्पा बीएमसी), श्री. नरेश शिगांवकर (सदस्य, कुळे बीएमसी), श्री. योगीराज गोसावी (फोंडा नगरपालिका), श्रीमती शितिजा नाईक (सचीव, मळकर्णे बीएमसी), श्री. देविदास वेळीप (अध्यक्ष, बार्शे केपे बीएमसी) हांका जाहिर जाला.

जैवविविधताय क्षेत्रातल्या  योगदाना खातीर विशेश सन्मान (प्रमाणपत्र आनी स्मृतिचिन्ह)  श्री. दीपक परब, श्री.  सखाराम परब, श्री.  विजयंती प्रभुगावकर, अॅड.  शशिकांत नाईक हांका जाहिर जाला.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/372

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.